# राज्यपालाकडल्यान रामनमीची परबीं

ता. 20 एप्रिल 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक रामनमीच्या धर्मीक आनी भक्तिमय उत्सवाच्या प्रसंगार काळजासावन ह्नह्नीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, रामनम हो संस्मरणीय दीस ज्या दिसा श्रीरामाचो जल्म जालो. वायट शक्तिंचो नाश करून धर्मस्थापना करपा खातीर श्रीराम मानव रूपात भुंयेर अवतरले. रामनमीचो सुवाळो आमकां सगळ्यांक श्रीरामाच्या तेजस्वी व्यक्तिमत्वाची आदर्श प्रतिमा नदरेमुखार हाडपाची एक संद आसा. धर्माच्या तत्वांप्रमाण ते आपली जीण जगले. आदर्श व्यक्तिमत्वाचे सगळें सद्गूण तांच्या आंगात आशिल्ले. ते एक आदर्श पुत्र, आदर्श बंधू, आदर्श पती, आदर्श इश्ट आनी आदर्श राजा आशिल्ले. तांचे आदर्श व्यक्तिमत्व आनी सभावगूणांक लागून तांचो राज्यकारभार रामराज्य म्हूण वळखुपात येता, जंय सत्याच्या मार्गान राज्यकारभार चलतालो.

ह्या शुभप्रसंगार आमी सत्य, नैतिकता, प्रामाणिकता, नम्रताय आनी उजू नितीतत्वांकडेन स्वता समर्पित जावया. ह्या वर्सा रामनमीचो सुवाळो आमी सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया. ह्या वर्साचो रामनमीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/417

--

Issued by Department of Information & Publicity